आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय  खबरो

Date : 01/08/2025          6.30 PM

65

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी धनबादतल्या इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी - इंडियन स्कूल ऑफ मायन्सच्या पदवीधर विद्यार्थ्यांक सद्याच्या समस्या सोडोवप आनी संशोधन करपा खातीर नवनिर्माणा सयत नवी पद्दत आनी तंत्रीक उदरगत आपणावपाचो उलो मारलो. ताणी आयज आयआयटी- आयएसएमच्या 45व्या दीक्षांत सुवाळ्यावेळार सांगले (बयतेस 20 सेक ) तंत्रगिन्यानाच्या वापरा वरवीं सामान्य आनी आदिवासी लोकांचे प्रस्न सोडोवपा खातीर ट्रायबल सेंटर ऑफ एक्सेलन्स स्थापन करपाच्या संस्थेन केल्ल्या यत्नांचीय ताणी  तोखणाय केली

40

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां वाराणसीक भेट दिवन, सुमार 2हजार 200 कोटी रुपयांच्या उदरगत प्रकल्पांचो शुभारंभ करतले. तशेच प्रधानमंत्री किसान सन्मान निधी येवजणेचो 20 वो हप्तो पात्र शेतकारांच्या बँक खात्यांनी जमा करतले . ह्या वेळार ते भौशीक बसकेत ऊलोवप करतले.

25

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 15 ऑगस्ट दिसा देशाक संबोधीत करतले. स्वातंत्र्य दिसाच्या ह्या उपोवपाखातीर सगळ्या नागरिकांक आपले विचार मायगॉव आनी नामो ॲपाचेर धाडचे अशे आवाहन प्रधानमंत्र्यानी  सोशल मिडियावरवी केलां.

45

भारतीय वेंचणूक आयोगान आयज नव्या उपराष्ट्रपतीचे वेंचणुके खातीर वेंचणुकेचें वेळापत्रक जाहीर केलें. वेंचणुके खातीर अधिसुचोवणी 7 ऑगस्टाक जारी जातली, उमेदवारी दाखल करपाची निमाणी तारीक 21 ऑगस्ट मेरेन आसतली आनी मतदान 9 सप्टेंबराक जातलें अशी म्हायती आयोगान दिल्या.जगदीप धनखरान राजिनामो दिल्या उपरांत हें पद रितें जालां.

105

संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनावेळार विरोधी वांगड्यांनी वेगवेगळया विशयांचेर केल्या बोवाळक लागून लोकसभेचे कामकाज पयली दंनपरा २ मरेन आनी उपरांत दीसभराखातीर स्थगीत केले. सकाळीं 11 वरांचेर कामकाज  सुरू जाले उपरांत सभापती ओम बिर्ला हाणी प्रस्न वरावेळार विरोधी पक्षांनी बिहारांत वेंचणूक यादींत सुदारणा रद्द करपाची मागणी करपी घोशणा दिवपाक सुरवात केली. प्रस्न तास आनी हेर म्हत्वाचो काम चालू दवरपाचें आवाहन सभापतीन केलें पूण कांयच फायदो जालो ना. राज्यसभेंतूय विरोधकांनी केल्या बोवाळाक लागून पयलीं दनपारां 12 मेरेन आनी उपरांत दिसभराखातीर कार्यवाही स्थगीत करची पडली. वेंचणूक आयोग ही घटनात्मक संस्था आशिल्ल्यान आनी हो प्रस्न न्यायालयीन आशिल्ल्यान बिहारांतल्या वेंचणूक यादींत सुदारणा करपा विशीं चर्चा जावची ना अशें हरिवंश हांणी स्पश्ट केलें.

35

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सशस्त्र दळ मुख्यालय (एएफएचक्यू) नागरी सेवेन देशाची संरक्षण मुळावी बांदावळ घटमूट करपाचो सदांच वावर केला अशे सांगलें . ते आयज नवी दिल्लींत एएफएचक्यू नागरी सेवा दिसा निमतान उलयतालें . ( बयतेस 25 सेक )

30

भारताच्या संरक्षण गरजांचे सोर्सिंग फकत देशांतल्या राश्ट्रीय सुरक्षा गरजो आनी रणनितीक मुल्यांकनाच्या आदाराचेर थारायतात अशें विदेश मंत्रालयान आयज सांगलें. संरक्षण खरेदी विशींच्या प्रस्नाक जाप दितना मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी ही म्हायती दिली.

40

नॅशनल पेमेंट्स कॉर्पोरेशन ऑफ इंडियान आयच्यान युनिफाइड पेमेंट्स इंटरफेस नेमाचो नवो संच चालीक लायला. नव्या नेमा खाला दरेका वेव्हारा पयलीं प्राप्तकर्त्याचे नाव प्रेषकाक दाखयतले. दरेक यूपीआय ॲप वापरप्यांक दिसाक 50 फावटीं बँकेची शिल्लक तपासपाक मेळटली. तशेच यूपीआय ऍप्लिकेशनां मर्यादीत करपाक वा थांबवपाक मेळटले

40

बिहारांत 2025 वर्साची मसुदो मतदार वळेरी आयज सगल्या 38 जिल्लो वेंचणूक अधिकाऱ्यां कडेन आनी जिल्लो दंडाधिकाऱ्यां कडेन दिली. ह्या वेंचणूक वळेरेंविशी च्या हरकतीचे दावे 1 सप्टेंबर मेरेन स्वीकारतले .उपरांत भारताच्या वेंचणूक आयोगान मान्यताय दिल्ल्या राजकी पक्षांक ही वळेरी दितले.

25

व्हायस एडमिरल संजय वत्सयन हांणी आयज नौदलाचे 47वे मुखेल म्हणून पदभार स्वीकारलो . TE पुण्याचे राष्ट्रीय संरक्षण अकादमीचे आदले विद्यार्थी आसात. मजगतीं लेफ्टनंट जनरल पुष्पेंद्र सिंग हाणीय नवो आर्मी स्टाफचे उपप्रमुख म्हणून पदभार स्वीकारलो
.

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम, मेघालय, बिहार आनी हिमाचल प्रदेशांत उटागराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेच भारतांतल्या ईशान्य आनी दक्षिण व्दीपकल्प वाठारांनी चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

मकाऊ ओपन बॅडमिंटन सर्तीत भारताच्या लक्ष्या सेन हांणी आयज दादल्यांच्या एकोट्या गटाच्या सेमी फायनलींत पावलं घाला

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.